**पणजे कदंब बस स्टँडार भारताच्या फाळणीच्या घटनांवयल्या प्रदर्शनाचें उक्तावण**

ता. 14 ऑगस्ट 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या कदंब बस स्टँडार म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान फाळणीच्या भयांकृत स्मृती दिसा निमतान आयोजीत विशेश प्रदर्शनाचें उक्तावण केले. पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, पणजीचे मेयर श्री. रोहित मोन्सेरात ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, देशाच्या फाळणी वेळार लाखांनी लोकांक विस्थापित जावचे पडले. त्या वेळार भयांकृत परिस्थिती आशिल्ली. लोकांक खुप त्रास सहन करचे पडले. आपले घरदार सोडचे पडले.

आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या सरकारान नागरिकता दुरूस्ती कायदो हाडून लोकांक न्याय दिल्लो आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

सुरवातीक म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हायती खात्याचे अधिकारी किरण मुनानकर, शांतो नाईक, गोविंद गावकार ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. श्याम गावकार हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/690

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.